# एक अप्रूप हाडाची काणी

**लेखक : विलियम स्टेग,  कोंकणी अणकार : गौरांग भांडीये**


# THE AMAZING BONE



**·WILLIAM STEIG·**



दीस सोबीत आशिल्लो. देखून शाळेंतल्यान सरळ घरा वच्चे बदला, पर्ल थोडें हे वटेन ते वटेन भोंवत रावलें. थंयचे व्हडले मनीस कसलीं कामां करतात ते पळयत रावलें, घडये व्हडलें जातकीच तेंय हींच कामां  करतलें.




ताणें सफाई कामगारांक रस्तो नितळ करतना पळयले.
ताणें बेकरी वाल्यांक भट्टेंतल्यान गरम-गरम डबलरोटी आनी
साकरेचो कीस मारिल्ले बन्स काडटना पळयले.



कोबल रस्त्या वेल्यान वतना ते माल्टीबिच्च्या पाग्या कडेन रावले आनी दोळे मोट्टे करून थंयचे कारबारी तोंडांतल्यान तंबाखूची पीक उडयत, घोड्याचे फेर्र जमनीर मोखून मारतात ते पळयत रावले.





मागीर तें आपले शाळे आनी घरा मजगतीं आशिल्ल्या जंगलांत एका जाग्यार वचून बसलें. वसंत रुतू सामको सुंदर, सोबीत लखलखीत. तातूंत हुनसार वारो पर्लाक नाजूकसाणेन पोशेवन गेलो आनी आपूणच फूल जालां काय कितें अशें ताका दिसलें. ताचो ल्हवसार नाजूक फ्रॉक ताका पाकळ्यां वरी दिसलो. “हांव ह्या सगळ्यांच्याच मोगात पडलां” हीं उतरां आपसूक ताच्या तोंडांतल्यान भायर सरलीं.



“हांवूय बी,” खंयच्यान तरी आवाज आयलो.


पर्लान सरळ बसत हे वटेन ते वटेन पळयलें. ताका थंय कोणूच दिश्टी पडलो ना.

“खंय आसा तूं?” पर्लान विचारलें.

“मातशें सकयल पळय,” ताका जाप मेळ्ळी. ताणें सकयल पळयलें. “हांव एक हाड. हांव तुज्या दावे वटेनच्या झाडा कडेन आशिल्ल्या जांबळया फुलां मदीं पडलां.”

पर्ल त्या इल्लुश्या हाडाक पळयत उरले. “तूं उलोवंक शकता?” ताणें विचारलें.

“हांव सगळे तरेच्यो भासो उलोवंक शकतां,” हाडान म्हणलें. “तुका जाय जाल्यार तुजे कडेन स्पॅनीश भाशेंत उलोवं? काय जर्मन भाशेंत उलोवं?



“हांव प्रत्येक आवाजाची नक्कल करूंक शकतां.”

उपरांत त्या हाडान सैनीकांक लडाये खातीर आफोवंक वाजयतात त्या बिगुलाचो आवाज काडलो. ताणें वारें व्हांवपाचो आनी मागीर टपटप पावस पडपाचो आवाज लेगीत काडलो.

मागीर तें घोरेलें आनी शिंकलें लेगीत.

पर्लाक ह्या सगळ्यांचेर विश्वास बसना जालो.

“तूं एक हाड,” ताणें म्हणलें. “मागीर तूं कशें शींक काडूंक शकता?”

“म्हाका खबर ना,” हाडान जाप दिली. “हें जग निर्माण हांवें थोडेंच केलां.”



“ए, अप्रुपी हाडा, हांव तुका म्हजे वांगडा घरा व्हरूं?” पर्लान विचारलें.
“हय हय,” हाडान म्हणलें. “हांव बरोच तेंप जालो, हांगासर एकलें पडून आसां. ह्या ऑगस्टांत म्हाका चेटकीणीचे खोटल्यांतल्यान हांगा पडलेल्याक वर्स जातलें. ती मुखार वतना तिका हांव पडलां म्हुणून आड्डून सांगूंक शकतालें पूण म्हाका तिचें हाड म्हुणून रावपाचें नासलें.
ती सदांच कोंगें खाताली, सगळ्या जेवणांक लसूण घालताली, आपल्या संदीवाता विशीं सदांच कागाळ करताली आनी खोदून खोदून प्रस्न विचारताली.
म्हाका तुज्या सारकें उमेदी आनी तरणाटे चलये वांगडा रावपाक खूब आवडटलें.”
पर्लान त्या हाडाक उखलून ल्हवूच आपल्या बोटव्यांत दवरलें. दोगांकूय एकामेकां कडेन उलोवंक मेळचे म्हूण ताणें आपलो बोटवो उक्तोच दवरलो. मागीर तें घरा कडेन वचपाक भायर सरलें. शाळेंतलीं पुस्तकां तणार दवरिल्लीं तें विसरून गेलें.



पर्लाक आपल्या आवय बापायक तें हाड दाखोवपाची ताकतीक आशिल्ली. तीं कितें म्हणटलीं? हाचोय ताका अंदाज आशिल्लो. जेन्ना तें त्या हाडा बद्दल आवयक सांगतलें तेन्ना ती म्हणटली, “आगो तुजी फकत ती कल्पना,” ताचो बापूय आवयचे गजाली कडेन एकमत जातलो. उपरांत हाड उलोवन त्या दोगांकूय अजापांत उडयतलें.

वसंत म्हयन्यांत पाचवीं पानां चकचकतालीं. बेब्यांचें टर्र-टर्र आयकूंक येतालें.

“खरेंच आयचो दीस खूब खाशेलो आसा,” पर्लान म्हणलें, “आयज कितल्यो अजापीत गजाली घडल्यो... तूं म्हाका मेळळें.”

“आनी तूं म्हाका मेळळे!” हाडान म्हणलें आनी तें हाड एक चाल गुणगुणपाक लागलें, ते चालीच्या नेटार पर्ल उमेदीन चलपाक लागले.

पूण ही उमेद चड वेळ तिगली ना. अचकीत एका व्हड फातरा फाटल्यांतल्यान कांय चोर आपलीं पिस्तुलां आनी सुरयो घेवन आयले. पर्लोक तीं कसल्या जातीचीं जनावरां ते कळ्ळे ना, कारण तांणी आंगार व्हडलें लांब आंगलें घाल्लें आनी तोंडार रुपडीं घाल्लीं. पूण ते खुबूच भयानक दिसताले आनी तांचे आवाज आंगार कांटो हाडपी आसले.




“तुजी पर्स आमचे सुवादीन कर,” तांच्या मदल्या एकल्यान फर्मायलें. हरशी, त्या चोरां कडल्यान सुटका करून घेवंक, पर्ल व्हडा खोशयेन आपली पर्स तांकां दीत आशिल्लें पूण आतां न्हय, हाड आशिल्लें न्हय पर्सींत!





“तूं म्हजी पर्स व्हरूंक शकना,” ताणें म्हळें. ताका आपणें दाखयल्ले धिटायेचे आपले आपणाकच अजाप दिसलें.

“पर्सी भितर कितें आसा?” दुसऱ्या चोरान विचारलें आनी आपलें पिस्तूल पर्लाल्या तकलेक लायलें.





“हांव आसां,” हाड गुरगुरलें. मागीर हाड जिवाण्या सारकें फुस्कारपाक लागलें, शिंवा भशेन डरकाळयो फोडूंक लागलें.

हें आयकून चोर एक सेकंद लेगीत थंय रावले नात, आनीक कितें जावपाक शकता ते पळोवंक रावनासतना ते पळळे. ते इतले गतीन धांवले, ते खंयचे वटेन पळळे ते कोणाक कळळे लेगीत ना. हें पळोवन पर्ल हासूंक लागलें. हाड लेगीत हांसलें.

मागीर तीं फुडें चलत रावलीं, आतां घडले ताचेर हांसत, मागीर ह्या विशयाचेर, त्या विशयाचेर चकाटां मारतालीं. इतल्यान झाडा फाटल्यांतल्यान एका कोल्यान उडकी मारली आनी तांची वाट आडयली. कोल्याच्या कोटाक एक जांबळें फूल आशिल्लें, हातांत बडी आनी आपले तिक्ष्ण धवे सुळे अख्ख्या जगाक दिसचे अशें पद्धतीन तो हांसतालो.



“रावात,” कोल्यान म्हळें. पर्ल भंयान थंयच घट जालें. “तुज्या सारक्याच्याच हांव सोदांत आसलो,” कोल्यान म्हळें. “

अशें कवळे, लुसलुशीत आनी गुबगुबीत.आयज रातचें हांव तुका खातलो.” अशे म्हणत ताणे पर्लाक वेगेंत घट्ट चिड्डिलो.



“सोड ताका, नालायका,” हाडान मोट्यान म्हळें, “ना जाल्यार हांव तुजें कान कोंचायतलों.”

“कोण उलयता?” कोल्यान अजापान विचारलें.

“हांव एक भुकेल्ले मानगें, म्हाका कोल्यांच्या ताज्या मांसाचे डांगर खावपाक आवडटा,” हाडान जाप दिली.



कोलो बुद्दीन भोलो आनी चोरां सारको ताका फसोवप शक्य नाशिल्ले. ताका भोंवतणीं खंयूच भयानक मानगें दिश्टी पडलें ना. ताणें पर्लाले पर्शीन पळयलें, कारण थंयच्यानूच आवाज येतालो. ताणें हाडाक पर्शीतल्यान भायर काडलें. “आरे, हें तर एक अप्रूप हाड, उलयता तें. हांव अशे तरेचें हाड केन्नाच्यान सोदतालों.” मागीर कोल्यान त्या हाडाक आपल्या बोल्सांत दवरलें. हाडान बोबो आनी खूब आड्डी मारल्यो पूण कांयच फरक पडलो ना.



उपरांत कोलो, पर्लाक ओडीत आपल्या घरा वटेन चलपाक लागलो. पर्ल मोठ्या मोठ्यान रडत आशिल्लें. ताचें रडप आयकून कांय खीण कोल्याक मात्शे वायट दिसले, पूण ताका रातचो खावपाचो ताचो बेत पक्को आशिल्लो.



“कोल्या बाब,” पर्लान काकुळटेन म्हणलें, “मरचे पयलीं कांय खीण तरी म्हाका म्हजें हाड परत कर न्ही!”

“बरें आसा,” कोल्यान म्हळें. आपल्या ह्या हळव्या सभावाचो ताका रागूय आयलो. पूण निमणे कडेन ताणें तें हाड पर्लाक दिलें, पर्लान काडून तें आपल्या पर्शीन दवरलें.

“तुमी ह्या सोबीत चलयेक जगूंक दिवंक जाय,” हाड आड्डुलें. “तुमी जें करतात ताची तुमकां लज दिसपाक जाय.”

कोलो हांसलो. “पयली म्हणल्यार म्हाका लज कित्याक दिसूंक जाय? हांव घडलां तसो आसा. हांवें खंय हो संवसार निर्माण केला?”


मागीर हाडान कोल्याचेर गाळयांचो शिंवोर केलो. “तूं भित्रो.” हाडान मुखार म्हणलें, “घाणयारे गटारांतल्या किड्या, मार्कियादा.”

गाळयांचो हो फार कोल्याक मातूय मानवलो ना. “तूं ओगी बस, ना जाल्यार हांव तुकाय बीन खातलों,” कोल्यान तिडकत म्हणलें. “एका उलोवपी हाडाक चाबतना म्हाका खूब मज्जा येतली… आनी तुजें तें आड्डुवप”



वतना वाटेर हाड ओग्गी रावलें. पर्लान लेगीत आपलें तोंड उगडलें ना.





जेन्ना तीं कोल्याच्या घरा पावलीं तेन्ना ताणें पर्लाक हाडा सयत एके रिते कुडींत धुकल्लें आनी उपरांत कुडीचें दार बंद केलें. पर्ल जमनीर बसून भकास नदरेन वणटीक पळयत बसलें.

“म्हाका खबर आसा, तुका कशें दिसता आसतलें,” हाड ल्हवूच फुसफुसलें.

“आतांच म्हज्या जिविताची सुरवात जाल्ली,” पर्लान चेपिल्ल्या आवाजान जाप दिली. “म्हाका इतले बेगीन मरपाचें ना.”


“समजता म्हाका.” हाडान म्हणलें.

“हातूंतल्यान सुटपा खातीर आमी कांयच करूंक शकनात?” पर्लान विचारलें.
“हय गो, कितें तरी सुचपाक जाय आशिल्ले म्हाका.” हाडान म्हणलें, “पूण म्हजी तकली मातूय चलना. म्हाका निरुपयोगी आनी दुख्खी दिसता.”
उपरांत रांदचेकुडींतल्यान कसलो तरी आवाज आयकूंक आयलो. “हो आवाज कसलो?” पर्लान विचारलें.
“म्हाका दिसता कोली सुरयेक धार काडटा.” हाड फुसफुसले.



“आय सायबा!” पर्ल रडपाक लागलें. “आनी हो कसलो आवाज?”

“अशें दिसता, रान्नींत लांकूड घालां,” हाडान जाप दिली.




“हें सगळे चड वेळ लायनासताना बेगीन सोंपल्यार पुरो,” पर्लान म्हणलें. ताका विनेग्र आनी तेलाचो वास येतालो. कोलो खावपा वांगडा सालादाची तयारी करतालो दिसता. पर्लान भंयान हाडाक घट्ट वेंग मारली.

“हाडा, म्हाका बरें दिसपाक कितें तरी उलय न्ही.”


“तूं म्हजे सामके मोगाचे गो,” हाडान म्हणलें.

“आनी तूंय म्हज्या मोगाचें,” पर्लान जाप दिली. मागीर ताका दाराक चावी भितर घाल्ल्याचो आवाज आयलो आनी भंयान ताच्या तोंडांतल्यान उतरां फुटना जालीं वा दारा कडेन पळोवपाक धीर जायना जालो.




“घट राव,” हाडान म्हळें. पूण पर्ल बाबडें भंयान साप्प थरथरतालें.

ताका वोडीत रांदचेकुडींत व्हेलें, थंय ताका चुलींतलो उजो भगभगताना दिसलो.



म्हाका तुज्या कडेन अशे तरेन वागतना खूब वायट दिसता. कोल्यान एक लांब श्वास घेत म्हणलें. वैयक्तीक अशें कांयच न्ही हें, ही म्हजी गरज.



“**यिब्बम!**” हाडान अचानक म्हणलें. ताका लेगीत खबर नाशिल्लें, ताणें अशें कित्याक म्हणलें.

“हो कसलो म्हूण आवाज?” कोल्यान भयाभीत जावन म्हणलें.

“**यिब्बम सिबिब्ब्ल!**” हाडान सुरान म्हणलें. “**जिबरक सिबिब्ब्ल दिगरे!**” आनी उपरांत अचानक अनपेक्षीत गजाल घडली. कोलो कितलेशेच इंच मोटवो जालो.

“अलाम्बम चिनूक बेबोपित्त गिबोजील!” हाडान आपलो मंत्र चालू दवरलो, आनी हाका लागून कोलो सोंश्याच्या आकारा इतलो ल्हान जालो. जें कितें जालें ताचेर कोणाचोच विश्वास बसना जालो - पर्लाकूय न्हय, कोल्याकूय न्हय आनी हाडाकूय न्हय.


पूण हें सगळें हाडान उलयल्ल्या शब्दांक लागूनच जाल्लें.



“**अदूनिस इश्गूलक कीबोक्किन यिबप्प!**” हाड मंत्र म्हणत रावलें.

आतां मेरेन कोलो ताच्या कपड्या सयत हुंदराच्या मापा इतले जाल्लो.

“**स्केब्बूनित!**” हाडान आदेश फर्मायलो. हें आयकून तो हुंदीर - जो प्रत्यक्षांत कोलो आसलो, तो सट्ट करून एका बिळांत घुसलो.



“म्हाका खबर नाशिल्लें, तूं जादू लेगीत जाणां म्हणून,” पर्लान वेगान श्वास घेत म्हणलें.

“म्हाका लेगीत खबर नाशिल्लें,” हाडान म्हणलें.

“मागीर तूं ते शब्द खंयच्यान शिकले?”


“खरेंच, म्हाकाय खबर ना,” हाडान म्हणलें. “ते म्हज्या तोंडांतल्यान सहज आयले वा अशें म्हण की सुटले. म्हाका दिसता, त्या चेटकिणी वांगडा रावन ते शब्द म्हजे तकलेंत घुसल्या आसतले.”

“तूं खरेंच एक अप्रूप हाड,” पर्लान म्हणलें. “हांव आयचो दीस जिवीतभर विसरचें ना.”






पर्ल जेन्ना घरा पावलें तेन्ना बरोच काळोख जाल्लो. पर्लान दार उगडलें बरोबर आवयन ताका वेंगेंत घेतलें, उपरांत बापायन. "तूं खंय आशिल्लें?" दोगांनी ताका विचारलें. "तुज्या हुस्क्यान आमी सामकी सुकलीं."



पर्ल कितें सांगतलें? ताका सुरवातीक कितें सांगू तेंच कळना जालें. मागीर ताणें हाड उखल्लें. “हें हाड,” ताणें म्हणलें, “उलोवंक शकता.” आनी जशें पर्लान चिंतिल्लें, तश्शे ताचे आवयन म्हणलें, “उलयता तें हाड? पर्ल, ही तुजी कल्पना बी न्ही मुगो?” ताच्या बापायन लेगीत तशेंच कितें म्हणलें. आनी जशें पर्लान चिंतिल्लें तश्शें हाडान उलोवन सगळ्यांक अजापांत उडयलें, “तुमचें चली सामकें असामान्य.”

पर्लाले आवय-बापूय ह्या धपक्यांतल्यान भायर येवचे पयलींच पर्लान पुराय दिसाची राम कथा सांगली आनी कशे तरेन हाडान ताका वाटयलें हेंय सांगलें. ताच्या आवय बापायक हें सगळे पचोवंक मात्शें कठीण आसले. पूण उपरांत ल्हवू ल्हवू तांकांय हें पटलें.



ल्हवू ल्हवू तें हाड घरचोच एक भाग जालें. हाडाक मदल्या मेजार एके चांदीचे परातीन व्हडा रेस्पेतान दवरलें. न्हिदपा वेळार पर्ल सदांच आपणा सयत ताका खाटीर व्हरतालें. हाड, पर्लाक सोबीत आल्लयो आनी गितां गावन न्हिदयतालें. केन्ना केन्ना दोगांय बरी रात जायसर खबरी मारतालीं.

जर कोणूय घरांत एकटो आसलो जाल्यार तें हाड सदांच ताचे कडेन उलोवपाक तयार आसतालें. ते जाय तेन्ना सोबीत संगीत आयकूंक शकताले. मात केन्ना केन्ना तांकां नाका आसतना लेगीत संगीत आयकूचें पडटालें.



**कॅलडीकोट हॉनर बूक**